# <u>विश्व ओलीत क्षेत्र दीस मनयलो</u>

ता. 13 फेब्रुवारी 2020

गोंय राज्य ओलीत क्षेत्र प्राधिकरणान हालीच पर्यावरण, रानां आनी हवामान बदल मंत्रालय, पर्यावरण खाते, गोंय सरकार आनी गोंय राज्य जैवविविधताय मंडळाच्या सहकार्यान "विश्व ओलीत क्षेत्र दीस" मनयलो.

प्रधान मुख्य रानपाल श्री. सुभाष चंद्रा हांणी पालवी प्रधान मुख्य रानपाल श्री. संतोष कुमार, पर्यावरण संचालक आनी गोंय राज्य ओलीत क्षेत्र प्राधिकरणाचे वांगडी सचिव श्री. जॉन्सन फर्नांडिस आनी राष्ट्रीय दर्या विज्ञान संस्थेचे संचालक डॉ. सनिल कुमार , गोंय राज्य जैवविविधताय मंडळाचे वांगडी सचिव डॉ. प्रदीप सरमोकादम आनी मुंबयचे नामनेचे लिमनोलॉजिस्ट डॉ. प्रमोद सालसकर हांच्या उपस्थितीत कार्यक्रमाचे उकतावण केले.

डॉ. प्रदीप सरमोकादम हांणी सुरवातीक उपस्थितांक येवकार दिलो. मानेस्तांच्या हस्तुकीं पुस्तीकेचे विमोचन जाले. तशेंच ओलीत क्षेत्र मित्र कार्डां भेटयली.

डॉ. सनिल कुमार हांणी गोंय राज्यात ओलीत क्षेत्रांचो सोध घेवपाक आनी म्हायती एकटाय करपाक एनआयओ कडल्यान सहकार्य करपाचे उतर दिले.

श्री. संतोष कुमार हांणी रानांचो सांबाळ करपा खातीर रानां खात्याकडल्यान राबोवपात येवपी येवजणांची म्हायती दिली.

श्री. सुभाष चंद्रा हांणी पर्यावरण आनी थळाव्या समाजाच्या इतिहासीक आनी अध्यात्मिक मुल्यांबाबतीत ओलीत क्षेत्राक आशिल्ले महत्व पटोवन दिले.

डॉ. प्रमोद सालसकर हांणी मुंबयच्या पवई तळ्याचेर व्याख्यान दिले. इला फर्नांडिस आनी आर्तुर डिसौजा हांणी कालापूरच्या बोंडवेल तळ्याची म्हायती दिली.

एनआयओ चे शास्त्रज्ञ डॉ. मंदार नांजकर हांणी ओलीत क्षेत्र सोध कार्यक्रमाची म्हायती दिली. श्री. महेश शिलकर हांणी वेरे वागुर्ला तळ्याच्या विकासाची म्हायती दिली. डॉ. शैलेश मोरजकर हांणी उपकार मानले आनी सुभाष झा हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

य राज्य ओलीत क्षेत्र प्राधिकरणाच्या कार्यालयात पावपाक जाय. सर्तींचो निकाल ता. 1 फेब्रुवारी 2020 दिसा "विश्व ओलीत क्षेत्र दीस" कार्यक्रमात जाहिर करतले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/137

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA